# पॅरा चॅम्पियन्स खेळगड्यांचो सत्कार

ता. 4 मे 2022

आयज पर्वरी हांगाच्या संजय स्कूलच्या मनोहर पर्रीकार मेमोरियल सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमात विंगड विंगड खेळां सर्तीनीं उत्कृश्ट कामगीरी करपी पॅरा चॅम्पियन्स खेळगड्यांचो सत्कार केलो.

कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे समाजकल्याण मंत्री श्री सुभाष फळदेसाय हांणी ह्या वेळार उलयतना पॅरा चॅम्पियन्स खेळगड्यांचे अभिनंदन करतना तांणी गोंयांक नांव मेळोवन दिल्ले आसा. आमका तुमचो अभिमान आसा, अशें म्हणलें.

श्री. फळदेसाय हांणी फुडें सांगलें की आपल्या खात्यावतीन पॅरा खेळगड्यांक सगळीं तरेची मदत आनी सहकार्य दिवपात येतली. दिव्यांगांच्या आंगात लेगीत खुप गुण आनी तांक आसता. तांकां प्रोत्साहन दिवन तांचो आत्मविश्वास वाडोवपाची गरज आसा. खास करून ग्रामीण वांठारांतल्या दिव्यांगांचो सोद घेवन तांकां फुडें येवपाक मदत करपाची गरज आसा. पालकांनी आपल्या दिव्यांग भुरग्यांमदले गुण वळखून तांकां प्रेरणा दिवपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.

ताचे पयली राज्य दिव्यांग व्यक्ती आनी समाज कल्याण आयुक्त कार्यालयान कदंब येरादारी महामंडळाच्या कर्मचाऱ्यांखातीर जागृताय आनी संवेदनशीलताय कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले. आमदार आनी कदंब येरादारी महामंडळाचे अध्यक्ष श्री उल्हास तुयेकर हांणी कार्यक्रमात उलयतना दिव्यांग व्यक्तींक प्रवास करतना साबार समस्यांक तोंड दिवचें पडटा अशें सांगून अशा तरेच्या लोकजागृती आनी संवेदनशीलताय कार्यक्रमांक लागून तांच्यो समस्यां सुटपाक मदत जातली अशें सांगलें. कदंब येरादारी महामंडळाच्या बसस्थानकांचेर दिव्यांगांक स्टॉल दिवपाचे उतर तांणी ह्यावेळार दिले.

दिव्यांग व्यक्तीं राज्य आयुक्त श्री गुरुप्रसाद पावसकर हांणी दिव्यांगांच्या कल्याणाखातीर आयोगावतीन राबोवपात येवपी येवजणो आनी सुविधांची म्हायती दिली.

ह्यावेळार दिव्यांग व्यक्तीं राज्य आयोगाची वेबसाइट https://scpwd.goa.gov.in लाँच केली.

समाज कल्याण सचीव श्री अरुण कुमार मिश्रा, सामाज कल्याण उपसंचालक (प्रशासन) श्री ताहा हजिक, कदंब येरादारी महामंडळाचे सरवेवस्थापक श्री संजय घाटे, दिव्यांग सल्लागार मंडळाचे अध्यक्ष श्री प्रकाश कामत, दिव्यांग हक्क संघटनेचे अध्यक्ष श्री आव्हेलिनो डिसा, दिव्यांग आयोगाच्यो आदल्यो अध्यक्ष श्रीमती अनुराधा

**जोशी, पॅरा ऑलिम्पिक असोसिएशनचे सचिव श्री सुदेश ठाकूर आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.**

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/319

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji